04.03.2026 7.20 pm

भाजपा सुकाणु समितीच्या आयज जाल्ल्या बसकेत खुपशा विषयांचेर चर्चा जाली

पणजी म्हापालिकेची वेंचणुक सुरळीत आनी शांतीकायेच्या वातावरणांत घेवपा खातीर वेंचणूक आयोगान आचारसंहितेच्या नेमांक पाळो दिवपाचो आदेश वेचणूक अधिकाऱ्यांक दिला

हैदराबादांत जाल्ल्या 39व्या तंत्रज्ञान शिखर सभेंत गोंयाक "डिजिटल एक्सेलन्स ॲवॉर्ड" दिवन भोवमानित केला

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी आयज मुंबय उच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधीश, न्यायाधीश संदीप के. शिंदे हांका लोकायुक्त पदाचो सोपूत दिलो

रश्मी 80

भाजपा सुकाणु समितीच्या आयज जाल्ल्या बसकेत येवपी विधानसभा अधिवेशन, सीसीपी वेंचणूक, फोंण्याची पोटवेंचणूक, नगरपालिका वेंचणूक अशा वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली. उद्‌देग प्रतिनिधीं कडेन चर्चा केल्या आनी अर्थसंकल्पा खातीर सामान्य लोकां कडल्यान

सुचोवण्यो मागल्यात. राज्या खातीर बरो अर्थसंकल्प मांडपाचो यत्न करतलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले. गोंय विधानसभेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 6-24 मार्च ह्या काळात जातले.जाल्यार 6 मार्चाक मुखेलमंत्री राज्याचो अर्थसंकल्प सादर करतलो.भाजपा अध्यक्ष दामू नायक हांणी पक्षा वतीन येवपी अर्थसंकल्पीय अधिवेशन खातीर सरकाराक वेगवेगळीं सुचोवण्यो दिल्यात आनी सरकार तांचेर विचार करतलो

DIP/गणेश 110

पणजी म्हापालिकेची वेंचणुक सुरळीत आनी शांतीकायेच्या वातावरणांत घेवपा खातीर वेंचणूक आयोगान सगळें राजकीय पक्ष, उमेदवार, अधिकृत एजंट, स्टार प्रचारक, उमेदवारांक आचारसंहितेच्या नेमांक पाळो दिवपाचो आदेश वेचणूक अधिकाऱ्यांक दिला.निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या पुर्व लेखी परवानगे बगर आचारसंहिता लागू आशिल्ल्या पणजी म्हापालिकेच्या वाठारांत भौशीक सभा, रॅली, रोडशो, पदयात्रा, कोनसो बसका, वाहनांची रॅली, राजकीय विशय आशिल्ली सांस्कृतीक कार्यावळ वा लोकांची गर्दी आशिल्ले खंयचीच हेर कार्यावळ आयोजीत करची न्हय. परवानगी घेवपा खातीर अर्जांत सुवात, थळ, तारीख, वेळ, मिरवणूक आसल्यार मार्गाचो आराखडो, लोकांची अपेक्षीत हाजेरी आनी

लावडस्पिकर वाहनांचो तपशील स्पश्टपणान दिवपाक जाय. लावडस्पिकर वापरा खातीरय पुर्व लेखी परवानगी घेवपाक जाय आनी ध्वनी प्रदुशणाच्या नेमांक पाळो दिवपाक जाय. आचारसंहिता नेम मोडल्यार दिल्ली परवानगी रद्द जातली. तशेंच आचारसंहिता नेम मोडल्यार कारवाय जातली.

रश्मी 50

अमेरिके-इझ्रायल-इराण संघर्शा मदीं परदेशांतले गोंयकार सुरक्षीत आसा, भिवपाची गरज ना अशें अनिवासी भारतीय व्यवहार आयुक्त ॲड नरेंद्र सावयकार हांणी म्हणला.ह्या झुजाच्या फांटभुयेर सध्या भिंरांत पाताळ्या.सुरक्षेचो प्रस्न थंय उप्रासला.गोंयचे कांय नागरीक ह्या देशात नोकरे निमतान राबीतो करतात.ताका लागुन ते सुरक्षीत आसात काय हाचेवीशी आमी तांच्या संर्पकान आसा अशे नरेंद्र सावयकार हांणी म्हणला.

सुभाष 90

राज्यातल्या कोयराच्या प्रस्नाचेर तकनीकी मजत दिवपी प्रकल्पाचेर राज्यांतल्यो ७०० माध्यमिक शाळांचे विद्यार्थी सद्या वावर करतात. शिक्षण संचालनालयाच्या CM-CARES फाट्यांन ही म्हत्वाकांक्षी सर्त घडोवन हाडल्या. अटल निर्णय कोडस २०२६ ह्या नावांची ही सर्त सवी ते णववी

च्या विद्यार्थ्यांखातीर आसा. फेब्रुवारी म्हयन्यात ह्या सर्तीत वांटेकार जावपी शाळांची निवड जावन तांच्या मुखेल्यांक प्रशिक्षीत लेगीत केल्यात. गावागावांनी वचून लोकांक कोयराच्या प्रस्नाचेर संवेदनशील करप , म्हायती दिवप, प्रशिक्षीत करप असोय वावर ह्या प्रकल्पाखाला चालू आसा. ह्या राज्य पांवड्यावेल्या सर्तीत जैतिवंत थारील्या पंगडाक ५० हजार रुपयांचे पयले , ४० हजार रुपयांचे दुसरें आनी ३० हजार रुपयांचे तिसरें इनाम फावो जातले .

सुभाष 80

फोंड्या तालुक्यातल्या वळवय गावांत फाल्या आनी तिथीप्रमाण शिवजयंती उत्सव मनयतले. श्री शिवछत्रपती प्रतिष्ठान तारी संस्था आनी गजांत लक्ष्मी संस्थान एकठांय येवन दरवर्सा हो उत्सव मनयतात. ह्या निमतान फाल्या ५ ते १५ वर्सां पिराय गटाखातीर हिंदवी स्वराज्य - मराठा साम्राज्य ह्या विषयाचेर वेशभूषा सर्त आयोजित केल्या. जैतिवंत सर्तकांक रोख इनामां दितले अशें आयोजकांनी कळीत केलां. हे सर्ती खेरीज वळवय आनी वेरें वाघुर्मे ग्राम पंचायत वाठारांतल्या मुळाव्या आनी माध्यमिक शाळांतल्या विद्यार्थ्यांखातीर खासा वेशभूषा सर्तीचे आयोजन केलां. ह्या सर्तीतल्या सगळ्या सहभागी सर्तकांक इनामां मेळटली अशें आयोजन समितीन जाहीर केलां.

महेश 100

आमदार जीत आरोलकार हांच्या हाजिरेंत आयज मांद्रे शिगोमोत्सव समितीची बसका जाली. शिगोमोत्सव कार्यावळ आनी किरण सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला समितीची निवड करपा विशीं चर्चा जाली. बसके उपरांत आयोजीत केल्ले पत्रकार परिशदेंत आमदार जीत आरोलकार हांणी अंदू मांद्रेचो शिगोमोत्सव गोंयांत सगळ्यांत बरो जातलो अशी आस्त उक्तायली आनी पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हांणी केल्ल्या सहकार्या खातीर उपकार मानले. गर्दी नियंत्रणांत दवरपाक पुलिसांक मजत करची अशें समितीच्या कार्यकर्त्यांक आवाहन करून शिगोमोत्सवांत वांटो घेवपी गांवगिऱ्या कलाकारांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर इनामाचे पयशे वाडयल्यात अशें जाहीर केलें. मांद्रे शिगोमोत्सवाचे चारय दीस आकर्शक इलेक्ट्रीक लायटींनी सजयतले आनी शिगोमोत्सवाची कार्यावळ मोरजी हांगा जातली आनी 18 तारखेक मांद्रे हांगा शोभा यात्रा जातली अशें तांणी सांगलें.

महेश 70

हैदराबादांत जाल्ल्या 39व्या तंत्रज्ञान शिखर सभेंत गोंयाक “डिजिटल एक्सेलन्स अॅवॉर्ड” दिवन भोवमानित केला.डिजिटल परिवर्तन आनी तंत्रज्ञान-चालित प्रशासनाच्या अवलंबनात राज्याच्या प्रगतीचेर हे मान्यतायेन उजवाड घाला .डिजिटल सुदारणां मळार गोंय हेरां परस चड कामगिरी करता अशें आयटी, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण मंत्री रोहन खवटे  हांणी सांगलें. बऱ्या फुडारा खातीर तंत्रगिन्यान आपणावपी दरेका गोंयकाराक हो पुरस्कार एक अभिमानास्पद कामगिरी अशें तांणी म्हणलें.
हो पुरस्कार ई-गव्हर्नन्स, डिजिटल भौशीक सेवा आनी नवनिर्माणाच्या फुडारपणा खाला वाडपाच्या मळार गोंयच्या उपक्रमांक मान्यताय दिता.

महेश 130

स्वयंपूर्ण गोंयच्या उपक्रमांच्या यशस्वी कथेत गोंयचो तरणाटो शेतकार वरद सामंत हांची येसस्वी गाथा आसा. 2015-16 वर्सा भेंण्याच्या ल्हान पिकाक सुरवात करून ताणें ल्हवू ल्हवू आपली लागवड सुमार 4 हजार चौखण मिटर मेरेन वाडयली. फाटल्या कांय वर्सांत ताणें कोबी, गाजर आनी टरबूजचि भर घालून उत्पादन आनी फायदो सातत्यान वाडयलो. दर हंगामांत निश्चित दरान भाजी

खरेदी करपी गोंय राज्य बागायती म्हामंडळाच्या दिल्या खात्रीशीर बाजार येवजणेक लागून ही व्हड वाड जाल्या. हमी दिल्ल्या दराच्या मॉडेलाक लागून वराद हाचे काम काज वाडपाक आनी 20 वयर कामगारांक वर्सभर रोजगार मेळपाक मदत जाल्या. गोंय आत्मनिर्भर करपाक शेतकारांची मुखेल भुमिका आसतली अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला ताच्या योगदानाक मान्यताय दिवन राज्यान वरद हाका आपलो शेतकी ब्रँड अँबॅसेडर म्हूण नेमणूक केल्या. शेतकाम हे एक फायदेशीर आनी प्रतिश्ठीत वेवसाय म्हणून तरणाट्यांक उर्बा दिवपा खातीर तो आतां तालुक्यांनी प्रसाराक भोवता .

DIP 90

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी आयज दोनापावला हांगाच्या राजभवनांत मुंबय उच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधीश, न्यायाधीश संदीप के. शिंदे हांका लोकायुक्त पदाचो सोपूत दिलो. मुखेल सचीव डॉ.व्ही.कांदवेलू हांणी लोकायुक्तांच्या नियुक्तीचो आदेश वाचलो. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत नवीन आणि अक्षय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक; मंत्री रामकृष्ण धवलिकर आणि सुभाष फल देसाई; विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव ; आमदार कृष्ण साळकार; गोवा उच्च न्यायालयाचे

न्यायाधीश न्यायमूर्ती वाल्मिकी मेनेझीस, न्यायमूर्ती डॉ. नीला गोखले, न्यायमूर्ती अमित जमसांडेकर, डीजीपी, आलोक कुमार, आयुक्त अरविंद नायर; राज्यपालांचे सचिव, अर्जुन मोहन, मुख्यमंत्र्यांचे सचिव ए अश्विन चंद्रू, लोकायुक्त सचिव मेल्विन वाझ आणि वरिष्ठ सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

महेश 80

काल रातीं उसरां कलंगूटांतल्या तिवय वाडो  हांगा उजो लागलो आनी दोन कोटेजी  पुरायपणान जळून खाक जाल्यो. उज्याक लागून इमारतींचें व्हड लुकसाण जालें, जाल्यार लागसारच्यो स कॉटेजी उज्यांतल्यान थोडक्यात वाटावल्यो. उजो लागल्याची म्हायती मेळ्ळया उपरांत पिलेर्न  उजो पालोवपी दळाच्या कर्मचाऱ्यांनी थंय धांव घेवन उजो निवळावपा खातीर आनी फुडलें लुकसाण जावचें न्हय म्हूण बेगोबेग  काम केलें.

Rashmi taxi 20

डिजिटल टॅक्सी धोरणा संबंदीं फाल्यां मंत्रालयांत सगल्या मुखेल टॅक्सी संघटनांची बसका जातली. बसकेंत परतून धोरण स्पश्ट करतले. ह्या प्रस्नाचेर कायम स्वरूपी उपाय सोदून काडपाच्या दीकेन सरकार काम करता.

स्पोर्ट्स 20

विध्यपीठ पातळी वेल्या आंतर विभागीय विझी ट्रॉफी क्रिकेट सरतीत पश्चिम विभागान सलग दुसरे जैत नोंद करताना पूर्व विभागाक 5 गडे राखून हारायले

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 31.6 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 23.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.